## माहिती हक्क कायदयाचेर मडगावा कार्यशाळा

ता. 18 डिसेंबर 2018
27 मार्गशीर्ष 1940

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन ता. 20 डिसेंबर 2018 दिसा दक्षिण गोंयात परिशद सभाघर, माथानी साल्डाणा जिल्होधिकारी प्रकल्प मडगाव हांगा माहिती हक्क कायदो 2005 चेर अर्द दीस कार्यशाळेचे आयोजन करपात येतले. सकाळी 9.30 ते दनपरा 1.30 मजगती जावपी कार्यशाळेत नगरपालिका, ग्रामपंचायत, गिरायक संघटना आनी मंचाचे प्रतिनिधी आनी नागरीक सहभागी जातले.

गोंय लोकप्रशासन संस्थेच्यो पालवी संचालिका श्रीमती सीमा फर्नांडिस आनी गोवा कॅन चे समन्वयक श्री. रोलांड मार्टिन्स कार्यशाळेत मार्गदर्शन करतले.

नागरीकांमदी माहिती हक्क कायदयाविशी जाग्रुताय करून सरकारी प्रशासनात पारदर्शकता आनी तत्परता हाडप हो हया कार्यशाळेचो मुळावो उद्देश आसा.

मा/सप/जीपीपी/प्रना/विगां/सुसुका/2018/1821